**तंबाकूची उत्पादनां आनी ई-सिगरेटच्या विक्री बाबतीत राज्यांक नवीन सुचोवणी**

ता. 7 फेब्रुवारी 2025

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान सगळीं राज्यां आनी केंद्रशासित प्रदेशांक नवीन सुचोवणी जारी केल्या की, वखदां आनी सौंदर्यप्रसाधनां कायदो 1940 अंतर्गत मान्यताय आशिल्ली उत्पादनां सोडून तांच्या अधिकारक्षेत्रात ई-सिगारेट, हीट-नॉट-बर्न उपकरणां, व्हेप, ई-शीशा, ई-निकोटीन फ्लेवर्ड हुक्का आनी निकोटीन वितरणाची शक्यता आशिल्ल्या अशा तरेच्या उपकरणां सयत कसल्याय इलेक्ट्रॉनिक निकोटीन वितरण प्रणालीची ऑनलायन विक्री सयत उत्पादन, वितरण, वेपार, आयात, विक्री आनी जायरात जावची ना, हाची खात्री करची.

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान आदीच सगळीं राज्यां आनी केंद्रशासित प्रदेशांक COTPA, 2003 आनी PECA, 2019 कायद्याची कडक अंमलबजावणी करपा खातीर सुचोवणी केल्ली आसा. भारत सरकारान सिगारेट आनी हर तंबाकू उत्पादनां (जायरात बंदी आनी वेपार, वाणिज्य, उत्पादन, पुरवण आनी वितरणाचे नियमन) कायदो (COTPA), 2023 लागू केल्लो आसा, जातूंत लोकांक आनी खास करून भुरगीं आनी तरणाट्यांचे तंबाकूच्या व्यसनापासून संरक्षण करपाचेर आनी भारतीय संविधानाच्या कलम 47 त नमूद केल्ले प्रमाण भौशीक भलायकी सुदारपाचो उद्देश आसा.

भारत सरकारान लोकांच्या भलायकेच्या हिताखातीर आनी निकोटीनच्या हानीपासून लोकांक वाचोवपा खातीर इलेक्ट्रॉनिक सिगारेटचे उत्पादन (उत्पादन, आयात, निर्यात, येरादारी, विक्री, वितरण, साठवणूक आनी जायरात) कायदो, 2019 लागू केला. PECA, 2019 च्या कलम 4त हेर गजाली वांगडाच इलेक्ट्रॉनिक सिगारेटचे उत्पादन, आयात, निर्यात, येरादारी, विक्री, वितरण, साठवणूक आनी जायरात करपाक बंदी आसा.

मंत्रालयान सगळीं राज्यां आनी केंद्रशासित प्रदेशांक भौशीक भलायकेच्या हिता खातीर तंबाकूची उत्पादनां आनी ई-सिगारेटची ऑनलाइन विक्री करप्यांआड योग्य कारवाय करपाचो सल्लो दिला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/125

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.